Panaji Regional News
22.06.2026 @ 7.20 pm

- मणिपुरांत कार्यरत आशिलो आनी बंदी घाल्या पीपल्स लिबरेशन आर्मी (PLA) संघटनेचो वाँटेड सदस्याक  गोंय पोलिसांच्या गुन्हाव फाट्यान व्हडा हुषारीन अटक केल्या
- अनुसूचीत जाती आनी जमाती विद्यार्थ्यांखातीरची गोंय इंफोटेक महामंडळाची लॅपटॉप येवजण जाहीर जातकच ताचो लाव धावी पास जाल्ल्या भूरग्यानी घेवंचो अशे आवाहन गोंय शालांत मंडळान केलां.
- बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान 'प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार' खातीर नामांकनां/अर्ज मागयल्यात
- केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सशक्तिकरण मंत्रालय 26 जूनाक "आंतरराष्ट्रीय धुंवळी वखदां सेवन आनी बेकायदेशीर वेव्हार विरोधी दीस" पाळटले.

मणिपुरांत कार्यरत आशिलो आनी बंदी घाल्या पीपल्स लिबरेशन आर्मी (PLA) संघटनेचो वाँटेड सदस्याक  गोंय पोलिसांच्या गुन्हाव फाट्यान व्हडा हुषारीन अटक केल्या. फाटल्या 20 वर्सांसावन तो फरार आशील्लो.पोलिसांनी दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण, नोंगथोंगबाम इंगो ऊर्फ कृष्णा ऊर्फ लाल, हो PLA चो स्वयंघोषित लेफ्टनंट कर्नल आशिल्लो. ताका फातोर्डा-मडगांव भागांतून शुक्रार दिसा ताब्यांत घेतलो. उपरांत ताका मणिपुर पोलिसांच्या सुवाधीन केला.

इंगो १६ जूनाक गोव्यांत आयील्लो. ताचेर बेकायदेशीर कारवाय प्रतिबंधक कायदो (UAPA), १९६७ अंतर्गत मणिपुरांत गुन्याव नोंद आसा. हो गुन्याव थौबल जिल्ह्यातल्या लिलोंग पोलिस स्थानकांत नोंद आसा. पोलिसांच्या म्हणण्या प्रमाण, ५ जूनाक मणिपुर पोलिसांनी खंडणी प्रकरणांत अटक केल्ल्या दोन उग्रवाद्यांकडल्यान इंगोची ब म्हायती मेळ्ळी. त्या म्हायतीच्या आधारान गोय पोलिसांनी सापळो रचून ताका अटक केली. प्रकरणाची फुडील तपासणी सुरू आसा.

अनुसूचीत जाती आनी जमाती विद्यार्थ्यांखातीरची गोंय इंफोटेक महामंडळाची लॅपटॉप येवजण जाहीर जातकच ताचो लाव धावी पास जाल्ल्या भूरग्यानी घेवंचो अशे आवाहन गोंय शालांत मंडळान केलां.  आनीक कांय दीसांभीतर ह्या लॅपटॉप येवजणे खातीर अर्ज करपाचें पोर्टल सुरू जातलें. या येवजणेचो लाभ घेवपाक विद्यार्थ्याचो जल्म गोयांत जाल्लो आसपाक जाय, नाल्यार आवय-बापाय मदल्या खंयच्याय एकाचो जल्म गोयांत जाल्लो आसप गरजेचे आसा. अनुसूचीत जाती आनी जमातीतलो विद्यार्थीच ह्या येवजणेखातीर पात्र आसतलो. विद्यार्थ्यान गोवा बोर्डाची धावीची परीक्षा पयल्याच यत्नांत पास केल्ली आसपाक जाय आनी ताका धावेचे परीक्षेंत उण्यांत उणे ७० टक्के गुण मेळिल्ले आसपाक जाय. गुणांच्या अटींत चले आनी चलयो या दोगांकुय, आपल्या तालुक्यांतल्या पयल्या ५ गुणवंत विद्यार्थ्यांच्या वळेरेंत आसचे पडटले.पात्रताय आशिल्ले विद्यार्थी ऑनलाईन फॉर्म भरून या येवजणे खातीर अर्ज करूंक शकतात.ऑनलाईन अर्जा वांगडा जल्माचो दाखलो, गोवा बोर्डान जारी केल्ली धावेची गुणपत्रिका, थरावीक नमुन्यांतली पालकाची संमती, अर्जदारदाराचे फोटो आशिल्ले वळखपत्र, पालकाची सही आशिल्लें वळखपत्र, आनी गोवा सरकारच्या सक्षम अधिकाऱ्याने जारी केल्ल्या जातीच्या दाखल्याची साक्षांकित प्रत जोडप गरजेचे आसा.ज्यांचे अर्ज पुराय तरेन भरिल्ले आसतले, त्याच अर्जांचो विचार जातलो. इन्फो टेक कॉर्पोरेशन ऑफ गोवा लि. ची समिती सगळया अर्जांची तपासणी करून दर

तालुक्यांतल्यान पयल्या ५ चल्यांची आनी ५ चलयांची निवड करतली. अर्ज करपाची तारीख कांय दीसांभीतर जाहीर जातली.

पोखिला लेकथेपी ही आसामी गायिका चार दसकां परस चड काळासावन कार्बी संगीत क्षेत्रात कार्यरत आसात. ३०० चड पदां गायिल्या ह्या गायिकेक अंदु वर्साचो देशाचो सर्वोच्च नागरी भौमान पदमश्री फाव जाला

भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी आयज लुधियाना हांगा नामनेचे शेतकी शास्त्रज्ञ आनी पद्मभूषण पुरस्कार फावो जाल्ले सरदार सिंग जोहल हांकां मेळून पंजाबांतल्या शेतकी संकश्टा विशीं चर्चा केली. शेतकी मळार उपाट योगदान दिवपी व्यक्तीमत्वा कडेन संवाद सादप हें एक सौभाग्य. जोहल हांचे कडेन संवाद सादतना शेतकी प्रस्नांचेर मोलादीक म्हायती मेळ्ळी अशें हे बसके उपरांत नबीन हांणी सांगलें.

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान 'प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार' खातीर नामांकनां/अर्ज मागयल्यात. हो एक प्रतिश्ठीत राश्ट्रीय पुरस्कार, जो भारत सरकारान भुरग्यांच्या वेगवेगळ्या मळार केल्ल्या असाधारण कामगिरीची वळख करून दिवपा खातीर दितात. शौर्य, समाज सेवा, पर्यावरण, खेळ, कला आनी संस्कृताय आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान अशा स श्रेणींत गुणवंत भुरग्यांचो भोवमान करपा खातीर हो पुरस्कार सुरू केला. नवी दिल्लींत जावपी खासा कार्यावळींत भारताचे राष्ट्रपती हो पुरस्कार दितली.ह्या खातीर अर्ज करपाक पात्रताय अशी आसा: अर्जदार भारतीय नागरिक आनी भारतांत रावपी आसूंक जाय; पिराय 5 वर्सां परस चड आनी 18 वर्सां सकयल आसपाक जाय. संबंदीत कृती/घटना/कामगिरी awards.gov.in संकेतथळार करची तशेंच अर्जदाराक हो पुरस्कार खंयच्याच श्रेणीत पयलीं मेळूंक फावना. तेच प्रमाण नामांकना संबंदी 'प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार' खातीर खंयचीय व्यक्ती वा संघटना हे नामांकन करूंक शकता. भुरगीं स्वता नामांकन करूनय अर्ज करपाक शकतात. तशेंच केंद्रीय मंत्री, मुख्यमंत्री/राज्यपाल/उपराज्यपाल, प्रशासक, संसद सदस्य, केंद्र सरकारची मंत्रालये/विभाग, राज्य सरकारे/केंद्रशासित प्रदेशांचे प्रशासन, राज्ये/केंद्रशासित प्रदेशांच्या बायला आनी बाल विकास/समाज कल्याण विभागांचे प्रधान सचिव, जिल्हा दंडाधिकारी/ नवोदय विद्यालय समिती अंतर्गत येवपी शैक्षणिक संस्था/शाळा कडच्यानुय शिफारसी मागयतले. तसेच चली, दुर्बल घटक, अनुसूचित जाती/अनुसूचित जमाती समुदाय आणि दिव्यांग व्यक्तींतली गुणवंत भूरग्याची निवड करपाक विशेष प्रयत्न करचे. ऑनलाइन नामांकन/शिफारस/अर्ज सादर करण्याची निमणी तारीख ३१ जुलै २०२६ आसा

'गोंयच्या राज्यपालाच्या लॉगीन' वरवीं आपली नामांकनां सादर करपाक सोदपी पात्र उमेदवारांनी 4 जुलय 2026 दिसा वा ताचे आदीं हार्ड कॉपींत आपलो प्रोफायल, गरजेचे कागदपत्र आनी कामगिरीचो तपशील 'बायल आनी भुरगीं उदरगत निदेशालय, दुसरो माळो, पोरनो शिक्षण इमारत, 18 जून रस्तो, पणजी' हागा सादर करचो, जेणेकरून छाननी आणि पोर्टलर फुडली कारवाय करपा खातीर 'लोक भवन' कडेन धाडूंक मेळटलें

धारबंदोडा तालुक्यांतल्या पिलिये हांगाच्या 'श्री भूमिका देवस्थानाच्या परिसराचे सुशोभीकरण आणि रोषणाई' प्रकल्पाचो बुन्यादि फातर साळगांव मतदारसंघाचे आमदार आनी गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष केदार नायक हांणी घालो .गोंय विधानसभेचे अध्यक्ष डॉ गणेश गावकार हे वेळार अशील्ले. तशेंच अशा उदरगतीच्या वावरांतल्यान गोंयचें गिरेस्त सांस्कृतीक आनी आध्यात्मिक दायज सांबाळपाचें आनी वाडोवपाचें म्हत्व तांणी उक्तायलें. ह्या निमतान धारबंदोडाचे जिला पंचायत वांगडी

रुपेश देसाय, संवर्देचे जिला पंचायत वांगडी. मोहन गावकर, सरपंच दामोदर नायक, देवस्थानाचे अध्यक्ष. दत्तराज गावस, हेर मानेस्त तशेंच भक्त आनी गांवकार हाजीर आशिल्ले.

जीटीडीसीन चालीक लायिल्ल्या ह्या प्रकल्पाचो हेतू देवळाच्या परिसराचे सौंदर्य आणि आध्यात्मिक वातावरण अधिक समृद्ध करप, तशेंच भक्त आनी पर्यटक हांचे खातीर सुविधा सुदारप आसा. धर्मीक आनी संस्कृतीक म्हत्व अशिल्ली थळां तिगोवन दवरपाची आनी गोंयांत आध्यात्मिक पर्यटनाक चालना दिवपाची सरकाराची वचनबद्धताय ह्या उपक्रमांतल्यान दिसून येता. उपस्थितांनी ह्या प्रकल्पाक येवकार दिलो आनी ह्या पवित्र देवळाची पवित्रताय आनी दायज तिगोवन दवरतनाच हो प्रकल्प वाठाराच्या सर्वांगीण उदरगतीतय भर घालतलो असो विस्वास उक्तायलो.

आधार ॲपाक लोकांचो बरो प्रतिसाद मेळपाक लागला आनी एप सुरू जाले उपरांत पांच म्हयन्यां परस उण्या काळांत 31 दशलक्ष डावनलोडाचो आंकडो हुंपला. लोकां मदीं ह्या ॲपाचो वाडतो वापर दरशयता कि सेवांचो सोपो उपलब्ध दिवपाचे नदरेन ॲपाची विश्वासार्हता वाडत आसा.जिवीत सोंपें करपा खातीर तयार केल्ल्या आधार ॲपा वरवीं लोकांक मोबायल नंबर अपडेट करप, आपलो पत्तो अपडेट करप आदी कामां सोपी जाल्यात.

आतां मेरेन 40 लाख लोकांनी नव्या आधार ॲपा वरवीं आपले मोबायल नंबर अद्ययावत केल्यात. तेच बरोबर सुमार 8 लाख 50 हजार लोकांनी ह्या ॲपा वरवीं आपलो पत्तो अद्ययावत केला. आधार ऍप्लिकेशन आधार धारकांक तांची वळख बाळगुपाक, दाखोवपाक, धाडपाक आनी तपासपाक सुरक्षीत, सोयीस्कर आनी गुप्ततायेक प्राधान्य मार्ग दिवपा खातीर तयार केला.

केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सशक्तिकरण मंत्रालय 26 जूनाक “आंतरराष्ट्रीय धुंवळी वखदां सेवन आनी बेकायदेशीर वेव्हार विरोधी दीस” पाळटले. आंतरराष्ट्रीय धुंवळी वखदां सेवन आनी बेकायदेशीर वेव्हार विरोधी दीस कार्यक्रमाचो भाग म्हूण गोंय सरकारच्या समाज कल्याण खात्यावतीन गोंयत 17 ते 26 जून मेरेन “नशा मुक्त भारत अभियान, विकसीत भारत की पहचान” ह्या संकल्पने खाला वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजीत करून धुंवळी वखदां सेवन आनी बेकायदेशीर वेव्हार विरोधी जागृताय करतले. ह्या सप्तकात धुंवळी वखदां सेवन आनी बेकायदेशीर वेव्हार विरोधी सोपूत घेवपा सयत शाळां/म्हाविद्यालयांच्या विद्यार्थ्यां खातीर पोस्टर मेकिंग, घोशणा बरोवप, निबंद लेखन सर्त आयोजीत करतात. तशेंच जागृताय रॅलीय काडटले.

गोयच्या रणजी क्रिकेट पगडा खातीर नवो प्रशिक्षक नेम्पाची आस्त आसा. हे विशी जीसिए चो विचार चलला. एमसीसी अखिल गोय प्रमुख मानाक्र टेबल टेनिस सरतीत १५ वर्सा सकय्ल्या एकोडीत चंदन कारे, रुहान शेख इशान कुलासो आणि रीयिंग मोदी हाणी उपांत्य फेरी गाठली.

भारतीय हवामान खात्यान अस्तंत बंगाल, कर्नाटक, तेलंगणा, केरळ, गोंय, ओडिशा आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी गडगड, वारें आनी व्हड पावस आनी काय सुवातानी पावस पडपाचो अदमास दिला.